# राष्ट्रीय भारतीय सैनिक महाविद्यालय प्रवेश

ता. 15 जानेवारी 2019
25 पौष 1940

देहरादून हांगाच्या राष्ट्रीय भारतीय सैनिक महाविद्यालयात जानेवारी 2020 सत्राखातीर 8 वी इयत्तेत प्रवेशाखातीर फकत चल्यांकडल्यान अर्ज मागल्यात. प्रवेशा खातीरची परीक्षा निवडक केंद्रांचेर ता. 1 आनी 2 जून 2019 दिसा जातली.

म्हायती पुस्तिका तथा अर्ज आनी पोरण्यो प्रस्न पत्रिका राष्ट्रीय भारतीय सैनिक महाविद्यालय, गढी केंट, देहरादून, उत्तराखंड पीन न. 248003 हांगाच्यान मेळोवपाक जाता. एका संचाखातीर सर्वसामान्य उमेदवारान रू.600/-, अनुसूचित जाती/जमातीच्या उमेदवारान रू. 555/- चो बँक ड्राफ्ट, कमांडंट, राष्ट्रीय भारतीय सैनिक महाविद्यालय, देहरादून, स्टेट बँक ऑफ इंडिया, तेल भवन, देहरादून (बँक कोड-01576) उत्तराखंड हया नाम्याचेर काडचो. अनुसूचित जाती/जमातीच्या उमेदवारान जातीच्या दाखल्याची सत्यापीत प्रत जोडपाक जाय. उमेदवारान आपलो पत्र वेव्हाराचो पुराय नामो टंकलिखित वा हातान स्पश्ट बरोवन पोस्टाचो पिन कोड आनी फोन नंबरासयत धाडचो. पोस्ट सेवेक लागून कळाव जाल्यार संस्था जापसालदार आसची ना.

फकत राष्ट्रीय भारतीय सैनिक महाविद्यालयातल्यान मेळयिल्ले अर्ज ग्राहय आसतले. भायल्यान मेळयिल्ले वा फोटोकॉपी केल्ले आनी महाविद्यालयाचो होलोग्राम (शिक्को) नाशिल्ले अर्ज स्वीकारचे नात. तशेंच खंयच्याच परिस्थितीत अर्ज शुल्क परत करपात येवचे ना.

विहित नमुन्याच्या प्रतीरूप (दोन प्रती) अर्जासयत उमेदवारान आपले दोन पासपोर्ट आकाराचे फोटो, राबीतो दाखलो, जल्म दाखलो (नगरपालिका वा ग्राम पंचायतीन जारी केल्लो), एससी, एसटी दाखलो आनी जल्म तारीख आनी उमेदवार शिकता त्या इयत्तेची म्हायती दिवपी फोटोसयत मुख्याध्यापकान सय केल्लो शाळेचो मुळ दाखलो जोडचो. अर्ज उमेदवाराचे पालक राबीतो करपी संबंदीत राज्य सरकाराकडेन ता. 31 मार्च 2019 मेरेन पावपाक जाय.

केंद्र सरकारी कर्मचारी भुरग्यांच्या पूर्व म्हायती सत्यापीत करपाखातीर, राज्य (जय उमेदवार परीक्षा दिवपाक सोदता) वयल्या दाखल्याविशी मागूक शकता. तशेंच उमेदवारांक राबीतो आशिल्ल्या राज्यातल्याच केंद्राचेर परीक्षा दिवपाक मेळटली. उमेदवारान अर्ज राज्य सरकाराक धाडपाक जाय. उमेदवारांनी राष्ट्रीय भारतीय सैनिक महाविद्यालयाक अर्ज धाडचे न्हय.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/38